१२-११-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

मुखेलमंत्री दिल्ली बॉम्ब स्फोट -

दिल्ली जाल्या बॉम्ब स्फोटाच्या फांटभुयेर गोंयांत लेगीत सुरक्षेच्या नदरेतल्यान कडक बंदोबस्त लागु केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. सोमारा राती एका मोटीरत दवरील्लया बोम्बान हो स्फोट घडोवन हाडील्लो. लाल किल्लयाच्या मेट्रो स्टेशनाच्या वाठारात हो बॉम्बस्फोट जाला. हे फांटभुयेर दिल्ली, तशेंच मेट्रो सिटी आनी देशातली हेर राज्यानी सध्या high alert तशेंच चोख पुलिस बंदोबस्त दवरला.गोयातुंय ह्या फांटभुयेर चोख सुरक्षा वेवस्था दवरला अशे मुखेलमंत्र्यान सांगले.byte

फ्फी तयारी -

आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव म्हणल्यारुच इफ्फीची तयारी पाच दिसाभितर पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. इफ्फीचो उक्तावण सुवाळो २० नोव्हेबराक आयनोक्स वाठारात दनपरा साडेतीन वराचेर सुरु जातलो. जाल्यार सुमार तीन वराची कार्यावळ ह्यावेलार जातली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय मनरिजवण संस्था, तशेचं पोरणी जीएमसी आनी आयनोक्स वाठारात इफ्फीच्या च्या सेट- अपाची तयारी कशी आसतली तांचो गोय मनरिजवण संस्थेचे मुखेल अधिकारी,आश्विन चंद्रु, तशेंच हेर अधिकाऱ्यासायत नियाळ घेतलो. अंदुचो इफ्फीचो उक्तवण सुवाळो भव्य दिव्य आसतलो. मात तातुंन सिनेमा मळावेल्या चित्ररथांचे आगळे वेगळे खाशेलपण आसतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

परेड पळोवपाक लोकांक तशेचं इफ्फीच्या उक्तावण सुवाळ्याच्या सुवातीर आसन व्यवस्था, सजावट, निमंत्रितांचो प्रवेश,इफ्फी पळोवक येवप्या खातीर वेवस्था हे विशी ह्यावेळार चर्चा जाली. इफ्फीच्या थळार निमंत्रितां खातीर ५०० जणांची आसन वेवस्था, जाल्यार सुमार १५०० गोंयकारांक बसपाची वेवस्था आसतली अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

बिरसा मुंडा -

भगवान बिरसा मुंडा हांच्या १५० व्या जयंती निमतान शेनवार १५ नोवेंबर दिसा मडगांवां एक व्हड मिरवणूक जावपाची आसा. अादिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी काल ह्याविशी उच्चस्तरीय बसका आपोवन मिरवणुकीच्या तयारीचो नियाळ घेतलो.

दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी कचेरेत तवडकर हांच्या येजमानकेखाला ही बसका जाली. ह्यावेळार दक्षिण गोंयच्यो जिल्होधिकारी अ्गना क्लिटस, आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक निलेश धायगोडकार तसेच येरादारी विभागाचे पुलीस हाजीर आशिल्ले

वॉकथॉन - ८०

पुणे आरपीओ म्हळ्यार प्रादेशिक पासपोर्ट कार्यालयान केंद्रिय अन्वेषण विभाग (सीबीआय) पुणे, टपाल विभाग, पुणे पोलिस आयुक्तालय आनी टाटा कन्सल्टन्सी सर्विसेस (टीसीएस) कंपनीच्या सहकार्यान वॉकथॉनचे आयोजन केल्ले. सतर्कता जनजागृती अभियान 2025 खाला आयोजित ह्या वॉकथॉनात एकचाराखातीर वचनबद्धताय, पारदर्शकताय आनी भौशीक सेवे कडेन जापसालदारकेच्या मुल्यांचेर भर दिलो. सीबीआय पुणेच्यो उप महानिरीक्षक सारा शर्मा हांणी हेर विभागांच्या अधिकाऱ्यांसयत ह्या वॉकथॉनचे फुडारपण केले. प्रशासनांत प्रतिबंधात्मक जागृताय आनी नैतीक आचरण हांचें म्हत्व तिणें आपल्या उलोवपांत उक्तायलें. पारदर्शक आनी लोकप्रधान प्रशासनांत आंतर विभागीय सहकार्याची म्हत्वाची भुमिका आसा असो उल्लेख तिणें केलो.

एसआयआर -

काल सांजेमेरेन वट्ट 11,85,034 मतदारांतले 14,067 गणना फॉर्म मेळ्ळ्यात जें 1.19% आसात अशी म्हायती मुखेल वेंचणूक अधिकारी आल्तिन्हो-पणजीच्या कार्यालयान दिल्या. गोंयांत एसआयआर सुरू जाले उपरांत 11,85,034 गणना फॉर्म छापले आनी सुमार ९९.९६% गणना फॉर्म मतदारांक पयलींच वितरित केल्यात. तशेंच मतदारांनी voters.eci.gov.in चेर भेट दिवन आपले गणना फॉर्म ऑनलायन सादर करूं येतात.

IMD 40

गोंय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण चडशे वताळ आसतले.

FIDE बुद्धिबळ - ११०

गोंयात सुरू आशिल्ल्या FIDE बुद्धिबळ संवसारीक कप २०२५ च्या चौथ्या फेरीयेच्या पयल्या खेळात काल भारताच्या अव्वल खेळगड्यांनी आपले वर्चस्व तिगोवन दवरले. आर. प्रज्ञानंदान रशियाच्या डॅनिल दुबोव्हआडच्या कठीण स्थितीतल्यान भायर पडून हो खेळ बादाबाद दवरपाक येस मेळयले. अर्जुन

एरिगासीन हंगेरीच्या पीटर लेकोआड फकत २० चालींत हो खेळ बादाबाद दवरलो, तर पी. हरिकृष्णान निल्स ग्रँडेलियस आनी कार्तिक वेंकटरमनान ले क्वांग लिएमआड गुण मेळयले. सद्या चारुंय भारतीय खेळगडे बरोबरीचेर आसात, देखून आयजच्या खेळात तांचे जैत तांका प्री-क्वार्टरफायनलीत सूवात निश्चित करपाखातीर महत्वाचे आसतले.

गोंयात 30 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेंबर मेरेन फिडे विश्वचषक 2025 सर्त सुरु आसा जातुत संवसारांतले नामनेचे खेळगडे वाटेकार जाल्यात. हो खेळ पळोवपाक सगळ्या खातीर उक्तो आसा. तिकटा विशीची माहिती WORLDCUP2025.FIDE.COM चेर आसा. खेळा मोग्यांनी हाचो मुजरत लाव घेवचो.